# सुषमा स्वराज्य हांच्या मरणाचेर राज्यपाला कडल्यान दुख्ख परगट

ता. 7 ऑगस्ट 2019
16 श्रावण 1941

गोयच्यो राज्यपाल श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी आदली परराष्ट्र मंत्री सुषमा स्वराज हांच्या मरणाचेर दुख्ख परगटायला.

राज्यपाल म्हणटा, सुषमा स्वराज आमच्यातल्यान वचप न्हय म्हजेच जाल्यार करोडांनी कुटुंबांचे न भरून येवपी लुकसाण आसा. ती राजकीय मळावयली म्हान आनी संवेदनशील तशेंच बायल मनशेंच्या गुणांनी भरील्ली एक धाडसी फुडारी आशिल्ली. फाटल्या दिसांनी दुयेंसातल्यान ती बरी जावची म्हुण देशातल्या सगळ्यां बायलां-दादल्यांनी देवाकडेन प्रार्थना केल्ली. देवान तांची प्रार्थना आयकली आनी ती बरी जाल्ली. 6 ऑगस्टाची सांज ही भारतीय राजकारणाचे व्हड लुकसाण जावन आसा. तांचे व्यक्तीमत्व हे भारतीय जनता पक्षापुरतेच नाशिल्ले.

राजकीय मळाच्या तेंगशेर पाविल्ल्या भारतीय बायलमनशेची ते वळख आशिल्ली. उच्च शिक्षीत सुषमा स्वराज एक उत्कृश्ट वक्ताच न्हय जाल्यार ती लोकसंस्कृतीची प्रवक्ता आशिल्ली. प्रत्येक सण-उत्सव, रिती-रिवाजाचो तीका अभ्यास आशिल्लो.

आपल्या देशाच्या नागरीकाप्रती माये-मोगाची भावना आशिल्ल्या सुषमा स्वराज हांणी विदेश मंत्री ह्या नात्यान विदेशात आडकून पडिल्ल्या बायलो-दादले, युवा-युवतीक आदार दिवपाचे काम केले. विदेश मंत्र्याखातीर तीणे उत्कृश्ट उदाहरण तयार केले. 1984 सावन म्हजो तीचे कडेन संबंध आशिल्लो आनी हे संबंद खुप लागीचे आशिल्ले.

गोंयचे लोक आनी म्हजे सगळे कुटंब देवाकडेन प्रार्थना करता की तांच्या आत्म्याक शांती लाभू. तांचे घरकार श्री. स्वराज कौशल, तांची धुव गुडिया (बांसूरी)तशेंच कुटुंबातल्या सगळ्यां सदस्यांक दुख्ख सहन करपाक शक्ती मागता, अशें राज्यपाल म्हणटा.

मा/वाप/एमएस/जॉआ/विगां/प्रधु/2019/474

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA